Panaji Regional 3rd September 2025 7.25am

CM Delhi – 30

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिल्लीत केंद्रीय वाणिज्य मंत्री पियुष गोयल हांची भेट घेतली. उद्येग आनी वेपार वाडोवपावीशी चर्चा जाल्ल्याची माहिती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिली.

PIB –90

भारत सरकाराचे दूरसंचार खातें आज 3 सप्टेंबराक दक्षिण गोंयात मोबोर वाटारांत अस्तंत विभागाची एक दीसाची वर्सुकी सुरक्षा परिशद घडोवन हाडटा. हे परिशदेंत महाराष्ट्र, गुजरात, मध्य प्रदेश, छत्तीसगड, राजस्थान, गोंय, दादरा-नगर-हवेली आनी दमन आनी दीव ह्या राज्यांतले आनी केंद्र शासित प्रदेशातले दूरसंचार खात्याचे सुरक्षा यंत्रणा अधिकारी, तशेंच केंद्रीय आनी राज्य पावडयावेले कायदो अंमलबजावणी संस्था आनी दूरसंचार सेवा पुरवणदार हाजीर आसतले. टेलीकॉम नेटवर्क इंटेलिजेंसाचे वाढते महत्व आणि कायदो अंमलबजावणी आनी सुरक्षा यंत्रणे वरवीं दूरसंचार आणि सायबर समन्वयाच्या साधनांचो प्रभावी वापर आदि संयत उदयोन्मुख सुरक्षा बाबींचेर ह्या परिषदेत लक्ष केंद्रित करतले.

Rashmi – 170

पणजी, कळंगूट, आनी हणजुण वाठारात सगळ्यात चड मोबायल चोरी जातात.हांतून गोंयांत येवपी पर्यटक तशेंच गोंयकारांच्या मोबायल फोनाचो आसपाव आसा अशी म्हायती उत्तर गोंय पुलीस अधिक्षक राहुल गुप्ता हांणी दील्या.चोरयेक गेल्ले सुमार 50 मोबायल फोन सोदुन काडपाक पुलिशेक येस आयला. हे सापडिल्ले मोबायल पुलिस म्हासंचालक के. आर चौरासिया हांच्या हस्तुकी मोबायलाच्या मुळ धनयांक दिवपाची कार्यावळ काल पणजेत पुलिस मुख्यालयात जाली.२०२३-२०२४ वर्सात आनी चालु वर्सात फाटल्या आठ म्हयन्यात चोरयेक गेल्लया मोबायल फोनांचो आसपाव आसा.

मोबायल चोरी जायत जाल्यार कागाळ करतल्यान ताचे विंशी telecommunication department of india च्या संचार सारथ पोर्टलाचेर वचुन

CEIR ह्या  यंत्रणेचेर वचुन  कागाळ नोंद करची अशे ह्यावेळार राहुल गुप्ता हांणी म्हणला.

जाल्यार गोंयचे आयजीपी के.आर चौरसिया हाणी शेणील्ले वा चोरी जाल्ले फोन परत मेळोवन ते मालकांक दिवपाच्या उत्तर गोय  पोलिसांनी घेतील्या फुढाकाराचे कौतुक केले. तशेंच सेकंड हँड फोन विकते घेतना फोनाची पडताळणी करची ,कारण शेणील्ले वा चोरी जाले फोन गुन्यावकाऱ्यांनी त्यांच्या गुन्ह्यांवात वापरील्ले आसपाचो दुबाव आसता अशे आवाहन नागरीकांक केला. ह्या फुडे लेगीत चोरयेक गेल्ले मोबायल सोदुन काडपाची मोहिम खरसाणीन सुरु उरतली अशी म्हायती तांणी दिल्या.

रश्मी - 80

केंद्रिय जलशक्ती मंत्रालय, तशेंच पिवपाच्या उदकाचे आनी स्वच्छतेचे खाते हांच्या जोड पालवान  दिल्लीत भारत मंडपमात  स्वच्छ भारत उपक्रमावरवी round table conference जालो.  गोंय राज्याचे पंचायत मंत्री माविन गुदिन्हो हांणी गोंय सरकारावतीन वतीन ह्या परीशदेत वाटो घेतिल्लो.  ह्या पीरशदेत देशातल्या केंद्र शासीत प्रदेश तशेंच वेगेवगळया राज्यातले मंत्री, मुखेल सचिव, तशेंच खाते प्रमुखांनी वाटो घेतिल्लो. केंद्रिय जल मंत्री सी. आर पाटील हांणी ह्यावेळार कोयरा पासुन उर्जा निर्मिती,तशेच नाविन्याच्या जोडपालवान स्वच्छतेक महत्व दिवपी उपक्रम चालीक लावचे अशे आवाहान केला.

सुशांत - 80

आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांच्या हस्तुकीं मडगांवां 'आदि कर्म योगी अभियान' या येवजणेखाला सुरु केल्ल्या चार दिसांच्या कार्यशाळेचे उक्तावण जाले. गोंयांत आदिवासीची सुमार १ लाख ६० हजार लोकसंख्या आसा. तातूंतलो ५० टक्के समाज स्वत:च्या पायाचेर उबो आसा. गोंयांत अजूनय ५ ते ६ हजार आदिवासी कुटुंबांच्या राबित्याचो दर्जो वाडोवपाक जाय. त्याखातीर ह्या कुटुंबामेरेन

पावून तांकांय उदरगतीच्या मुखेल धारेत हाडपाखातीर प्रयत्न जावपाक जाय अशें मत तांणी उक्तायलें.

DIP 50

शस्त्र प्रशिक्षण विभाग आयएनएस हंसा, दाबोळी हांगा आज आनी फाल्या केळशी रेंज भागात लहान शस्त्रांची गोळीबार प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजित करता. गोळीबार रेंजाच्या लागीच्या वाटारांत नागरिकांक आणि मालमत्तेक कसलोच धोको नासतलो. गोळीबाराच्या आवाजान रहिवाशांनी भीयेवन वचचे न्हय असो सल्लो दिला. केळशी रेंज कडेच्या दर्या देगेर वचपाक थळाव्याक मनाय आसा . तसेच नुसतेमारी बोट /मनरिजवन बोटीनी रेंजच्या २ किलो मिटर दर्या देगेच्या भागात बंदी आसा.

Weather – 40

हवामान खात्यान आयज गोंयांत घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. ते प्रमाण आयज पावसाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान २८ degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान २४ degrees celcius इतले आसतले.

Sports – 35

आयच्यान स स्प्टेंबर मेरेन कांपालार इंडोर स्टेडियमांत आंतर राज्य अस्तंत विभागाची बेडमिंटन सर्त जातली.ही सर्त भारतीय बेडमिंटन म्हासंघाच्या पालवान जातली.सर्तींत छत्तीसगड,गुजरात मध्य प्रदेश,म्हाराष्ट्र आनी गोंय राज्यांतल्या खेळगड्यांचो आस्पाव आसा.आज सकाळी साडेणव वरांचेर सर्तीक सुरवात जातली.